**राज्यपालाकडल्यान  गोंयच्या लोकांक नातलांची परबीं**

ता. 24 डिसेंबर  2020

गोंयचे राज्यपाल श्री. भगत सिंह कोश्यारी हांणी गोंयच्या लोकांक नातलांची परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, नातलांच्या शुभ प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक आनी खास करून ख्रिश्चन भावांक म्हजी काळजासावन ह्नुनह्नीत परबीं आनी शुभकामना भेटयता.

नातलां ही उमेदीची परब, ह्या दिसा परमेश्वराचो  पूत जेजू ख्रिस्त मनशाक पातकांतल्यान मेकळो करपा खातीर रक्षणकर्तो म्ह्नण ह्या भुंयेर आयलो. बायबलांत म्हणला, परमेश्वरान ह्या संवसाराचेर इतलो मोग केला की तांणी आपलो एकुलतो एक पूत आमकां दिलो. जेजू ख्रिताची जीण आमकां शिकयता की तांणी शांतीकाय, मोग, करूणा , भावपण आनी सलोख्याच्या शाश्वत मुल्ल्यांची शिकवण दिली. मनीस जातीच्या भल्याखातीर तो स्वता खुरसार चडलो. तांची जीण आनी शिकवण ह्या  पिडिल्ल्या संवसारांत सदाच दुख्ख आनी पिडा पयस करपाक उपेगी थारतली.

ह्या परबेच्या प्रसंगार परमेश्वराच्या पूताचो जल्म दीस मनयताना आमी शांतीकाय आनी सलोख्यान जगपाक आनी देशाची कीर्त आनी प्रगती खातीर समर्पित जावया, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/764

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji